**मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंय घटक राज्य दिसाची परबीं**

ता. 29 मे 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी 39व्या गोंय घटक राज्य दिसा निमतान गोंयच्या लोकांक परबीं भेटयल्या.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आपल्या संदेशांत म्हणटा, गोंय परकिय राजवटीतल्यान 19 डिसेंबर 1961 वर्सा मुक्त जाले. उपरांत गोंयांक घटक राज्याचो दर्जो मेळप खुप म्हत्वाचे आशिल्लें आनी गोंयच्या लोकांची चळवळ आनी प्रयत्नांतल्यान 30 मे 1987 दिसा गोंयकारांचे घटक राज्याचे स्वप्न पुर्ण जाले. गोंयांक वेगळी अस्मिताय मेळ्ळी. गोंयाक घटक राज्याचो दर्जो मेळोवपाक गोंयचे फुडारी, सुटके झूजांरी आनी लोकांनी खुप यत्न केले. आयच्या ह्या इतिहासीक प्रसंगार आमी तांकां नमन करूया.

आयज गोंय राज्यान अनेक मळार तोखणायेची उदरगत केल्ली आसा. स्वयंपूर्ण गोंय करपा खातीर सरकारान अनेक उपक्रम चालीक लायिल्ले आसा. विकसीत गोंय-विकसीत भारत निर्माण करपा खातीर आमी आयच्या प्रसंगार सगळ्यांनी एकवटान काम करपाचो निर्धार करूया, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/502

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.